# APAAR ID अंमलबजावणी खातीर मेगा अपार दिसांची घोशणा

ता. 2 डिसेंबर 2024

शिक्षण संचालनालयान APAAR ID अंमलबजावणीक नेट दिवपा खातीर 9 आनी 10 डिसेंबराक मेगा अपार दिसांची घोशणा केल्या. राज्यांतल्या सगल्या विद्यार्थ्यांची कायम 12 डिजिटांची APAAR ID तयार करपा खातीर नेटान पावलां मारल्यात. अशा अपार आयडीक लागून विद्यार्थ्यांची शालेय प्रगती, हजेरी आनी हेर नोंद डिजिटल लॉकरात साठोवपाक मेळटली. डिजी लॉकरात साठयिल्ली म्हायती आनी दाखल्यांचो वापर उच्च शिक्षण वा रोजगारा खातीर करपाक मेळटलो.

मेगा अपार दिसांनी सगल्या शाळांनी UDISE पोर्टलाचेर विद्यार्थ्यांची म्हायती अपडेट करप आनी APAAR Ids तयार करपाचे काम जातले. शिक्षण संचालनालयान सगल्या शाळांक परिपत्रक धाडून अपार दिसांची अंमलबजावणी करपाक सांगला.

APAAR ID तयार करपा खातीर सगलें पालक आनी विद्यार्थ्यांनी आपल्या संबंदीत शाळांक सहकार्य करचे. विद्यार्थ्यांक APAAR ID चो विद्यार्थ्यांक फुडारांत बरो फायदो जातलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/658

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.